Aakashwani Panaji National news 8.40 am, 22 February 2025

आदिवासी समाजाची उदरगत आनी सशक्तीकरण, हें सरकारा खातीर प्राधान्य आसा, हांचेर केंद्रीय घरमंत्री अमित शाह हाणी भर दिला. काल नवी दिल्लीच्या गुजरात भवनांत, तांणी गुजरातांतल्या दांग जिल्हयांतल्या संतोकबा ढोलकिया विद्या मंदिरांतल्या, गांवगिऱ्या आनी आदिवासी समाजांतल्या विद्यार्थ्यां कडेन, शिक्षणीक संवाद सादलो. ह्या संवादांत मंत्री शाहा हाणी उलयतना सांगले, कि प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी स्वातंत्र्या उपरांत, आदिवासी समाजाक तांच्या हक्काची, मान्यताय दिल्या.

---

---

उपराष्ट्रपती जगदीप धनखर हाणी शाश्वत उदरगत आतां पर्याय ना, आनी तो एकूच मार्ग आसा अशे सांगलें . काल नवी दिल्लींत जाल्ल्या 21व्या आफ्रिकन-आशियाई ग्रामीण उदरगत संघटनेच्या परिशदेच्या उक्तावण अधिवेशनांत मार्गदर्शन करतना मंत्री धनखर हाणी , ग्रामीण क्षेत्राच्या आदारान शाश्वत उदरगतीची बुन्याद घालूंक मेळटा अशेंय सांगलें . जागतिक दक्षिणेक संवसारीक मळार दवरप ही प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीची इत्सा आसा अशें तांणी सांगलें. कृतीम बुद्धिमत्ता , इंटरनॅट ऑफ थिंग्स, मशीन लर्निंग, ब्लॉकचेन ह्या सारक्या विघटनकारी तंत्रगिन्यानाचो उदय जाल्ल्यान आव्हानां सापडटात पूण संदीय येता अशें उप्राष्ट्रपतीनी सांगलें.

---

पूसा कृशी विज्ञान मेळ 2025 आयज नवी दिल्लींत आयोजीत जातलो. केंद्रीय कृशी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान उक्तावण करतले. ह्या तीन दिसांच्या मेळाचो विशय, उन्नत कृशी - विकसित भारत असो आसा . भारतीय शेतकी संशोधन संस्थेन विकसीत केल्ल्या नव्या जातींच्या आनी तंत्रगिन्यानाचें थेट प्रदर्शन म्हळ्यार कृषी विज्ञान मेळ्याचे मुखेल आकर्शण. हाचे भायर भारतीय शेतकी संशोधन संस्था, कृशी विज्ञान केंद्रां, शेतकार उत्पादक संघटना, उद्देजक आनी स्टार्टअप हांचे आशादायक तंत्रगिन्यान, उत्पादनां आनी सेवांचेर प्रदर्शनां घडोवन हाडटले.

आकाशवाणीचेर फाल्यां जावपी, ‘मन की बात’ कार्यावळींत, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी, देश विदेशांतल्या लोकांकडेन आपले विचार उक्तायतले. म्हयन्याळ्या रेडिओ कार्यावळीचो, हो 119वो भाग आसतलो. आकाशवाणी आनी दूरदर्शनाच्या पुराय नेटवर्काचेर, AIR न्यूज संकेतथळार, न्यूजऑनएअर मोबायल ॲपाचेर ही कार्यावळ प्रसारीत जातली. तशेंच AIR न्यूज, डीडी न्यूज, पीएमओ, आनी म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाच्या युट्युब चॅनलांचेर, ताची लायव्ह वितरवणी जातली. आकाशवाणी हिंदी प्रसारणा उपरांत रोखडीच, प्रादेशिक भाशांनी ही कार्यावळ प्रसारीत करतले.

---

भारताची अर्थीक वाड करपाक जपान हो मुखेल इश्ट आशिल्लो आनी परकी गुंतवणुकीचो 5वो व्हडलो स्रोत आसा अशें केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी सांगलां. काल नवी दिल्लींत भारत-जपान अर्थवेवस्था आनी गुंतवणूक मंचाकमार्गदर्शन करतना गोयल हाणी , जपानांतल्यान प्रत्यक्ष परकी गुंतवणूक 2000 ते 2024 ह्या काळांत 43 अब्ज डॉलर परस चड जाल्या अशेंय सांगलें

---

उपराष्ट्रपती आयज, महाराष्ट्रांतल्या छत्रपती संभाजीनगरांत, दीसभराच्या भोंवडेर वतले. ह्या भेटी वेळार, उपराष्ट्रपती डॉ. बाबासाहेब आंबेडकर मराठवाडा विद्यापिठाच्या 65व्या दीक्षांत समारोहांत, मुखेल सोयरे म्हणून उलोवप करतले. आनी सरस्वती भुवन म्हाविद्यालयांत, संविधान जागृताय वर्स आनी अमृत महोत्सवाचें उक्तावण करतले. तशेंच उपराष्ट्रपती, विद्यापिठांत ‘प्रधानमंत्री उच्चतर शिक्षा अभियान’ खाला चार नव्या इमारतींची बुन्याद घालतले.

---

भाशेच्यो आडमेळीं मोडप ही आमची सामुहीक जापसालदारकी आसूंक जाय अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. काल नवी दिल्लींत 98व्या अखिल भारतीय मराठी साहित्य संमेलनाचें उक्तावण करतना प्रधानमंत्री मोदी हांणी समाजांतल्या पिडित आनी वंचित वर्गांक समाजीक मुक्तीचीं दारां उक्तीं करपाचें उल्लेखनीय काम मराठी भास आनी मराठी साहित्यान केलां अशें सांगले .भारतीय भाशां मदीं केन्नाच दुस्मानकाय जावंक ना अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी नदरेक हाडलें

केंद्रीय घर आनी सहकार मंत्री अमित शाह आयज पुणेक भेट दिता. घर मंत्रालयाच्या अस्तंत विभागीय मंडळाचे 27वे बसकेचे अध्यक्षपद ते सांभळटलें . हे परिशदेंत महाराष्ट्र, गुजरात आनी गोंय ह्या राज्यांचे मुखेलमंत्री, प्रशासक, वरिश्ठ मंत्री आनी वरिश्ठ प्रशासकीय अधिकारी तशेंच दादरा आनी नगर हवेली आनी दमन आनी दीव ह्या केंद्रीय प्रदेशांतले मुखेलमंत्री हाजीर आसतले. हे भेटी वेळार अमित शाह जनता सहकारी बँकेच्या प्लॅटिनम महोत्सव वर्साच्या समारोप सुवाळ्याकय हाजीर आसतले . मंत्री शाह पुणे जिल्ह्यांतल्या प्रधानमंत्री ग्रामीण आवास येवजणेच्या दुसऱ्या पांवड्याच्या लावार्थ्यांक मान्यताय पत्रां वांटतले. हे येवजणेचो पयलो हप्तो त्याच वेळार राज्यांतल्या 10 लाख लावार्थ्यांकय वांटून दितले. ह्या कार्यावळींत मुखेलमंत्री देवेंद्र फडणवीस उपमुखेलमंत्री एकनाथ शिंदे आनी अजीत पवार हांचे वांगडा हेर मानेस्त हाजीर आसतले.

---

प्रयागराजांतल्या महाकुंभाच्या त्रिवेणी संगमांत आतां मेरेन 59 कोटी 31 लाखां वयर भक्तांनी पवित्र न्हाण केला . आयज नामनेच्या मानेस्तां मदीं केंद्रीय मंत्री आनी भाजपाचे अध्यक्ष जे पी नड्डा संगमांत पवित्र घेवन घेवन प्रार्थना करतले. ताचे वांगडा उत्तर प्रदेशाचे मुखेलमंत्री योगी आदित्यनाथ आसतले

---

विदेश वेव्हार मंत्री dr एस जयशंकर हांणी शुक्रारा “ध्रुवीकृत” जागतीक परिस्थिती मदीं जी-20 साची एकात्मता तिगोवन दवरपा खातीर भारत आनी चीनाच्या संयुक्त यत्नांचेर भर दिलो.जी-20 विदेश वेव्हार मंत्र्यांचे बसकेंत वांटो घेवपा खातीर दक्षिण आफ्रिकेक दोन दिसांच्या भेटीचेर मंत्री जयशंकर जोहान्सबर्गांत आसा.ध्रुवीकृत जागतीक परिस्थितींत दोनूय देशांनी जी-20 सा ची जतनाय घेवपाक आनी राखण करपाक कश्ट घेतल्यात हें आमी वळखुपाक जाय अशें तांणी हांगा जावपी जी-20 विदेश वेव्हार मंत्र्यांचे बसकेत चीनी समकक्ष वांग यी हांचे कडेन जाल्ले द्विपक्षीय बसकेंत उक्तावण उलोवपांत सांगलें.फाटल्या वर्सा रशियेंतल्या काझानांत राष्ट्राध्यक्ष शी जिनपिंग आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचे मदीं जाल्ले यशस्वी बसके उपरांत चीनाच्या परराश्ट्र मंत्रालयान जारी केल्ल्या प्रेस विज्ञप्ती प्रमाण दोनूय देशां मदीं सगळ्या पांवड्यार आदान-प्रदान वेवस्थीतपणान परतून सुरू जाला अशें वांग हांणी सांगलें.

शिमेच्या प्रस्नांचेर खासा प्रतिनिधींच्या बसकेंत मतभेद योग्य रितीन हाताळपाचेर एकमत जाल्या अशें वांग हांणी सांगलें.वांग आनी राष्ट्रीय सुरक्षा सल्लागार अजीत दोवाल हे भारत-चीन शिमेचे यंत्रणेचे खाशेले प्रतिनिधी आसात.दोन देशां मदीं राजनयिक संबंद स्थापन जाल्ल्याच्या 75व्या वर्साच्या यादस्तीक कार्यावळीं खातीर भारता वांगडा वावुरपाक आनी द्विपक्षीय संबंदांच्या उदरगतींत नवी चालना दिवपाक चीन तयार आसा अशें वांग हाणी सांगलें.दक्षिण आफ्रिका 2025 वर्सा खातीर जी-20 संघटनेची येजमानकी घेता. .जी-२० संघटनेचे वांगडी

आर्जेन्टिना, ऑस्ट्रेलिया, ब्राझील, कॅनडा, चीन, फ्रांस, जर्मनी, भारत, इंडोनेशिया, इटली, जपान, कोरिया प्रजासत्ताक, मेक्सिको, रशिया, साउदी अरेबिया, दक्षिण आफ्रिका, तुर्की, युनायटेड किंगडम, अमेरिका , आफ्रिकन संघ आनी युरोपीय संघ आसात . जी-20 सारकिल्या मंचांनी भारत आनी चीनाक तांच्या द्विपक्षीय संबंदांतल्या आव्हानात्मक काळांत संवाद सादपाची संद मेळ्ळ्या अशे मंत्री जैष्णकार हानी म्हणाला .नोव्हेंबर २०२४ वर्सा जी-२० शिखर सभेंत रिओ द जानैरु हांगा वांग हांचे कडेन निमाणे बसके उपरांत घडिल्ल्या घडामोडींचेर विचार करतना मंत्री जयशंकर हांणी चालू आशिल्ल्या राजनयिक आदान-प्रदानांक मान्यताय दिली.वांग हांणी आपल्या उक्तावण उलोवपांत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी चीनाचे अध्यक्ष शी जिनपिंग हांचे मदली बसका द्विपक्षीय संबंदांतली ‘फाटल्या वर्सा सगळ्यांत म्हत्वाची गजाल अशिल्ली अशें वर्णन केलां.आमच्या फुडाऱ्यांनी हो संबंद सुदारपाची एकंदर दिका मांडली आनी चीन आनी भारतान शेजारी म्हूण परस्पर फायद्याच्या सहकार्यान वांटो घेवंक जाय, आनी एकामेकांच्या येसस्वीपणांत योगदान दिवचें अशें आमी पुष्टी करतात अशे वांग हाणी म्हणले

---

भारतीय हवामान खात्यान फाल्यां मेरेन उदेंत भारतात गडगड, वीज आनी वादळा वांगडा पावसाचो अदमास उक्तायला . आयज अस्तंत बंगाल, झारखंड आनी ओडिशात एकसुरे सुवातेर वादळाची परिस्तिथी जावपाची शक्यताय आसा.

मंगळारा सावन दोन दीस हिमाचल प्रदेशांतल्या जम्मू-काश्मीर-लद्दाख-गिलगित-बाल्तिस्तान-मुजफ्फराबादत गडगड आनी वीज पडपा संयत मध्यम पावस आनी बर्फ पडपाची शक्यताय आसा. आयज मेरेन हिमाचल प्रदेशांतल्या सुवातांनी रातच्या वेळार आनी सकाळीं पयलींच आनी उपहिमालयाच्या अस्तंत बंगाल आनी सिक्किमात 24 फेब्रुवारी मेरेन दाट धुक्याची परिस्थितीची शक्यताय आसा. फुडल्या 4 दिसांत वायव्य भारतात चडांत चड तापमान 2-4 अंश सेल्सियस वाडपाची शक्यताय आसा अशेंय हवामान खात्यानं कळयला.

---

हॉकी एफ.आय.एच प्रो लीगांत, काल रातीं, भुवनेश्वरांतल्या कलिंग हॉकी स्टेडियमांत, आयर्लंड आड जाल्ल्या खेळात भारतीय दादल्यांच्या पंगडान, 3-1 अशे जैत मेळयलें. आयर्लंडान बरी सुरवात केली, 8व्या मिणटार जेरेमी डंकनान गोल केलो. पूण मनदीप सिंगाच्या बरोबरीच्या गोलान, भारतान परतून उडी मारली.